**उद्देगीक आस्थापनांनी फटींग मनशा पासून सतर्क रावपाची प्रदूशण नियंत्रण मंडळाची शिटकावणी**

ता. 1 नोव्हेंबर 2025

गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळाचे अधिकारी/कर्मचारी आशिल्ल्याचे सांगून कांय व्यक्ती गोंयांतले उद्देग आनी आस्थापनांकडेन संपर्क करतात आनी मंडळा वतीन कारवाय करून तांचे उद्देग आनी आस्थांपनां बंद करपाची शिटकावणी दितात, अशें गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळाच्या नदरेक आयला. मंडळान उद्देग आनी आस्थांपनांच्या मालकांक अशां फटींग मनशां पासून सतर्क रावपाक सांगला.

हे मनीस कारवायेची धमकी दिवन आनी फटींगपणा सांगून लांच मागतात आनी लांच दिली ना जाल्यार मंडळा वतीन कारवाय जातली, अशी धमकी दितात. तशेंच उद्देगांक मंडळा कडल्यान परवानगी मेळोवन दिवपाचे आस्वासन दितात आनी मंडळाच्या बँक खात्याचो नंबर आशिल्ल्याचे सांगून त्या बँक खात्यात परवानो शुल्क जमा करपाक सांगता.

तशेंच हे व्यक्ती मंडळाच्या लेटरहेडाचेर बनावट परवानो आदेश आनी हेर दाखलेय उद्देगांक दितात. मंडळाचे कर्मचारी आनी अधिकारी परवानो मेळोवपाक वा अधिकृत दाखले/संमती आदेश जारी करपाक अशा तरेन काम करीनात, अशें मंडळान कळीत केला.

अशां फटींगपणाच्या कारवाया बाबतीत मंडळान आदीच पुलीस अधिकाऱ्यांकडेन कागाळ नोंद केल्ली आसा. तशेंच लोकांनी अशा फटींग मनशांची म्हायती मंडळाक दिवची.

उद्देगांक परवान्यां खातीर अर्ज सादर करपाक मजत करपा खातीर मंडळान एक मजत कक्ष सुरू केल्लो आसा. राज्यांतल्या उद्देगांनी आपले प्रस्न आनी समस्यां खातीर मजत कक्षाचो मो. नं.9356709461 चेर संपर्क करपाचो सल्लो मंडळान दिला. उद्देगीक आस्थापनां आनी सामान्य लोकांनी फटींग व्यक्तींच्या कसल्याय विनंत्याक/फोन कॉल/निर्देशांक बळी पडचे न्हय. तशेंच अशा घडणूकांची कागाळ दक्षता अधिकारी, वरिश्ठ पर्यावरण अभियंता/मंडळाच्या वांगडी सचीव कार्यालय़ा कडेन करची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/840

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.